**Panaji Regional 19th October 2025 7.25am**

Diwali

दिवाळीचे खरेदी खातीर शेनवारा पणजे सयत गोंयांतल्या वेगवेगळ्या बाजारांनी खूब गर्दी दिसताली. बाजारांत आकाशदिवे, पणट्यो, विद्यूत रोशणायेच्यो माळो, रांगोळी, नरकासूराचीं म्होवाळीं, कृत्रीम फुलांच्यो माळो, सोबेच्यो हेर वस्तू खरेदी खातीर लोकांची ताकतीक दिसताली. तशेंच गांवठी फोव, सादे फोव, कारिटां हांची खरेदी लेगीत लोक व्हड प्रमाणांत करताले. शेनवारा बाजार वाठारा सयत खूबश्या रस्त्यांचेर येरादारीची कोंयडी जाल्ली. पणजे बाजारांत पोरूंचे तुळेंत वस्तूंचे दर वाडलां. पूण खरेदीची उमेद मात तशींच आसा. दिवाळे खातीर गरजेचें आशिल्ले गांवठी फोव 100 ते 120 रुपया किल दरान विकतात. सादें फोव 70 रुपया किल विकतात. आनी कारटां 20 रुपया 5 नग आसात.

बाजारांत आकाशदिव्याचे दर आकार आनी डिजायनाचेर आदारून 200 ते 1 हजार रुपया मेरेन आसात. मातयेच्यो साद्यो पणट्यो 50 ते 80 रुपया डझन जाल्यार, कलर आनी डिजायन केल्ल्यो पणत्यो 15 ते 40 रुपयांक एक विकताले. इलेक्ट्रीक लायटीच्यो माळो 200 ते 1500 रुपयांक. कृत्रिम फुलांच्यो माळा 30 ते 150 रुपया विकतात.

---------------------------------------------------

रासय शिपयार्‌ सील

बोटीची बांदावळ चालू अ ासतना अकस्मात उजो पेटून शुक्रारा रासय लोटली हांगाच्या विजय मरीन शिपयार्डात स्फोट जावन दोघां कामगाराक मरण आयिल्ल्यान हे शिपयार्ड सील करपाचो आदेश दक्षिण गोंयच्या े जिल्हाधिकारी ॲग्ना. ि क्लिटस हांणी काल दिलो. त्या उपरांत ह्या शिपयार्डाक कुलप लायला. कारखाने बाष्पक खाते, कामगार खाते आनी प्रदुषण नियंत्रण मंडळ हांणी ह्या यार्डाची तपासणी करून तेविशींचो अहवाल जिल्हो प्रशासनाक सादर करचो अशी

सुचोवणी क्लिटस हांणी केल्या. शिक्रारा सांजवेळा साडे पाच वराच्या सुमारास ही उजाे लागपाची दुर्घटना घडिल्ली. तातूंत आठ जाण कामगार जखमी जाल्ले. तांतल्या दोघांक पैर मरण आयिल्ले जाल्यार हे पाच जाणांक जखमी अवस्थेत गोंय वैजकी म्हाविद्यालय हॉस्पिटलात दाखल केल्ले. हेर चार जाणांचेर उपचार चालू आसात पूण तांची भलायकी चिंता करपासारकी आसा अशें कळीत केला. वेल्डींगाचे काम चालू अासतना ही दुर्घटना जाली अशंे मुळाव्या चाैकशेत दिसून आयला.

---------------------------------------------------

माधव बोरकार संमेलनाचे अध्यक्ष

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या 26 व्या अखिल भारतीय साहित्य संमेलनाचे अध्यक्ष म्हणून ज्येश्ठ कोंकणी कवी माधव बोरकार हांची एकमतान निवड जाली. परिशदेचे हालींच जाल्ले आमसभेचे बसकेंत हो निर्णय जालो. साहित्य संमेलन 22 आनी 23 नोव्हेंबराक केरळ राज्यांतल्या एर्नाकुलम शारांत ए. जे. हॉलांत घडून येवपाचें आसा. साहित्य अकादेमी अणकार पुरस्कारय तांकां प्राप्त जाला. हाचे भायर, कोंकणी भाशा मंडळ, टी. एम. ए. पै पुरस्कार, विश्व कोंकणी केंद्राचो विमला पै पुरस्कार, गोंय राज्य सांस्कृतीक पुरस्कार, गोवा कोंकणी अकादेमी कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार तांकां फावो जाल्यात. साहित्य संमेलनाचें आयोजन करपाची जापसालदारकी केरळांतल्या कोंकणी संस्थांनी संयुक्तपणान घेतल्या. संमेलनाक हाजीर रावंक सोदपी प्रतिनिधींनी नांव-नोंदणी करूंक सुरवात केल्या.

---------------------------------------------------

CNRT

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

---------------------------------------------------

Cricket

अंदूंचे रणजी क्रिकेट हंगामाक उत्कृश्ट करतना येजमान गोंय पंगडान आपले पयले लीग मॅचींत चंदीगढ पंगडाक डाव आनी 75 धांवड्यांनी हारायलो. पर्वरी क्रिकेट अकादमीचेर जाल्ले एलीट ब गटांतली ही मॅच जिखिल्ल्यान गोंयाक बोनस गुणा सयत 7 गूण फावो जाले.

गोंयान पयल्या डावांत धांवड्यांचो दोंगर उबारून जैताची बुन्याद घाली. ह्या धांवड्यां मुखार चंदीगढाचो डाव गडगडलो. तांचो पयलो डाव गोंयच्या बॉलरांनी फकत 137 धांवड्यांचेर गुठलावन तांकां सुरवातीकूच बॅकफुटाचेर धुकल्लो.विशूक दर्शनान आनी निशुंक बिर्लाक मोहितान बाद केल्या उपरांत सैनी हाका दर्शनान बोल्ड करून गोंयाक आकर्शक जैत मेळोवन दिलें.

गोंया वतीन दर्शन मिशाळान 124 धांवड्यांनी 5, मोहित रेडकारान 93 धांवड्यांनी 3 जाल्यार अर्जुन तेंडुलकर आनी ललित यादव हांणी दरेकी एक विकेट घेतली.

गोंयची दुसरी मॅच कर्नाटक पंगडा आड बंगळुरूंत 25 ते 28 ऑक्टोबर ह्या कालावधींत जातली.

---------------------------------------------------

Weather

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडा चड तापमान 33 डिग्रीस celcius आनि उण्यांत उणे तापमान 25 डिग्रीस celcius इतले आसतले.

---------------------------------------------------